आयर्नमॅन 70.3 गोवा सर्ती निमतान येरादारीत बदल

ता. 29 ऑक्टोबर 2026

आयर्नमॅन 70.3 गोवा सर्ती निमतान 1 नोव्हेंबर 2026 दिसा दिवजा सर्कल, कदंब बसस्थानक सर्कल, पणजी ते नव्या जुवारी पुला मेरेन (आगशी वटेन) येरादारीत बदल केल्लो आसतलो. 1 नोव्हेंबर 2026 दिसा सकाळी 5.00 ते सांजेची 3.00 मेरेन कदंब बसस्थानक सर्कल, पणजी ते नव्या जुवारी पुला मेरेन (आगशी वटेन) एनएच- 66 च्या उजव्या वटेनच्या लेनीतल्यान दोनीय वटेनची येरादारी चालू आसतली. अॅथलेटीक खेळगड्यांच्या सुरक्षेखातीर मेरशी जंक्शन आनी हेर आवश्यक सुवातांचेर बॅरिकेड्स घालतले आनी येरादारीक सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावपात येतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/677

-

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.